# गोवा कोंकणी अकादेमी
## पणजी – गोंय
## शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन येवजण

## ( शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन 70% अर्थीक पालव )
### अर्जीपत्र

1. लेखकाचें नांव :- ------------------------------
2. पत्तो :- ------------------------------

   :- ------------------------------
3. हातबरपाचें नांव :- ------------------------------
4. शिक्षणीक साहित्य प्रकार :- ------------------------------
5. पत्र वेव्हाराचो पत्तो आनी फोन नंबर:- ------------------------------
   ई–मेल

हांवे हे येवजणेचे नेम वाचल्यात, ते म्हाका मान्य आसात.

तारीख :----------

---------------
अर्जदाराची सय

( अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख :-- 5|10|2023 -------- )

* अर्जीपत्रा सांगाताक जोडल्यात.

1) हातबरपाच्यो टायपसेट केल्ल्यो तीन प्रती
2) खात्रीपत्र

---------------------------------------------------------------

------ कार्यालयाखातीर ----------

**गोवा कोंकणी अकादेमी**
**पणजी – गोंय**
**शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन येवजण**

## ( शिक्षणीक साहित्य प्रकाशनाक 70% अर्थीक पालव )

1. येवजणेचें नांव :– शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन येवजण
2. येवजणेचो हावेस :– शिक्षणीक मळावयले साहित्य देवनागरी वा रोमी लिपींत उजवाडाक हाडून शिकपी भुरग्यांक शिकपाक आदार करप.

3. **येवजणेचें नेम** :

(1) लेखक वा प्रकाशकान हे येवजणेखाला अर्ज करुंक शकता.

(2) लेखनाचो दर्जे पळोवन समिती हे येवजणेखाला हातबरपांची निवड करतली. ह्या पुस्तकांत चित्रां/नकाशे/फोटो बी अस्पावपाक मान्यताय आसतली.

(3) हे येवजणेखाला खंयच्याय शिक्षणीक साहित्य प्रकारांतलें स्वतंत्ररितीन बरयिल्ले हातबरप पात्र आसतलें.

(4) हातबरप टायपसेट केल्ले आसपाक जाय. ताच्यो तीन प्रती वांगडा धाडपाक जाय, वा पानांची संख्या समितीचे शिफारसीक धरून आसतली.

(5) हातबरपाची कमीत कमी 100 पानां आनी चडांत चड 150 पानां आसपाक जाय.

(6) हातबरप हे येवजणेखाला छापणावळीखातीर योग्य आसा कांय किते हें अकादेमीन नेमिल्लीं समिती /तज्ञ थारायतली.

(7) हे येवजणेखाला निवड जाल्ल्या पुस्तकाच्यो 500 प्रती छापपाक अकादेमी छापणावळीचो 70% खर्च प्रकाशकाक/लेखकांक दितली.

(8) हे येवजणेखाला अकादेमीकडेन सादर केल्लें हातबरप टायपसेट केल्लें आसूंक जाय. हातान बरयिल्लें हातबरप तशेंच छापील कात्रणाच्या प्रतींचो विचार जावचो ना. तशेंच अर्जा वांगडा हातबरपाच्यो तीन प्रती सादर करपाक जाय.

(9) हे येवजणेखाला मान्य जाल्ल्या पुस्तकाच्या लेखकाक प्रती वा मानधन अकादेमी दिवंची ना. अर्जदार प्रकाशक आसल्यार ते संबंदीचो वेव्हार स्वता लेखकान प्रकाशकाकडेन करचो पडटलो.

(10) हे येवजणेखाला अर्ज प्रकाशकान सादर केल्यार, सादर केल्ल्या हातबरपावांगडा ताणें संबंदीत लेखकाचें छापणावळी खातीरचें मान्यतायपत्र अकादेमीक सादर करचें पडटलें.

(11) हे येवजणेखाला एका लेखकाक वर्साक एकाच पुस्तकाक अकादेमी अर्थीक पालव दितली.

(12) गोवा कोंकणी अकादेमीकडल्यान लेखकाक ज्या पुस्तकाक अर्थीक पालव मान्य जाला, त्या पुस्तकाखातीर खंयचेय दुसरे संस्थेकडल्यान वा व्यक्तीकडल्यान छापणावळीक अर्थीक आदार घेवपाक मेकळीक आसचीना.

(13) अर्थीक पालव मंजूर जाल्ले तारखेसावन तीन म्हयन्या भितर पुस्तक छापून येवचे पडटलें. नाजाल्यार मंजूर जाल्लो अर्थीक पालव रद्द जातलो.

(14) खंयचेय प्रक्रियेवेळार, अकादेमीच्या खंयच्याय नेमाचो अर्जदाराकडसून भंग जाला अशें अकादेमीचे नदरेक आयलें तर मान्य जाल्ली रक्कम आडावन दवरप, रद्द/उणें करप वा दिल्ल्या अनुदानाची व्याजासयत वसुली करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

(15) वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो वा रद्द करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

■ ******************